**महिला वैज्ञानिकांखातीर अर्ज मागयल्यात**

ता. 28 जुलय 2021

गोंय राज्य विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंडळान महिला वैज्ञानिक येवजणेखाला महिला वैज्ञानिकांच्या निवडीखातीर अर्ज मागयल्यात. केंद्र सरकाराच्या विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंत्रालयाची ही म्हत्वाची येवजण आसा. पेटंट सुविधा केंद्राखाला ह्या येवजणेची अंमलबजावणी करपात येता. ह्या येवजणेखाला महिला वैज्ञानिकांक कामाचेर आसना बौद्धीक मालमत्ता हक्क (आयपीआर) क्षेत्राचे एक वर्स प्रशिक्षण दितात.

1 एप्रिल 2021 दिसा 27 ते 45 वर्सां पिराय गटात आस्पावित विज्ञान वा अभियांत्रिकी वा तंत्रज्ञानात पदवीधर आशिल्ल्यो भारतीय नागरिक महिला अर्ज करपाक पात्र आसात.

निवड जाल्ल्या महिलांक शिक्षणीक पात्रताये प्रमाण एका वर्साच्या प्रशिक्षण काळांत विद्यावेतन दिवपात येतले. मूलभूत वा अप्लायड विज्ञानात एमएससी / बी.टेक उमेदवारांक म्हयन्याक 25,000/- रूपया, एमफील / एमटेक / एमफार्म / एमव्हीएससी उमेदवारांक म्हयन्याक 30,000/- रूपया, मूलभूत वा अप्लायड विज्ञानात पीएचडी वा तत्सम् शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्या उमेदवारांक म्हयन्याक 35,000/- रूपया विद्यावेतन दितले.

अदीक म्हायती खातीर आनी 31 जुलय 2021 मेरेन ऑनलाईन अर्ज सादर करपाखातीर www.tifac.org.in ह्या संकेतथळाक भेट दिवची.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/624